१५.०९.२०२५ ७.20

- कर्नाटकान म्हादय न्हंयचें उदक वळोवप बंद करपा खातीर सरकारान बेगोबेग उपाय करचे अशी मागणी म्हादय बचाव अभियानाच्या शिश्टमंडळान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकार हांका केल्या.
- ओन्दूची 'स्वच्छता ही सेवा' मोहीम १७ सप्टेंबराक सुरू जावन 2 ऑक्टोबर मेरेन स्वच्छ भारत दिवस कार्यावळीन सोपतली.
- गोवा क्रिकेट संघटणेचे अध्यक्ष आनी हेर पदां खातीर फाल्या मंगळार, १६ तारखेर वेंचणूक जातली.
- ३० व्या राजमाता जिजाबाई करंडका खातीरच्या राष्ट्रीय सिनीयर महीला फुटबोल सर्तित बायला पंगडान शेगीत तिसरें जैत मेळयत मुखेल फेरयेंतली आपली सुवात पक्की केल्या

<u>रश्मी 190</u>

कर्नाटकान म्हादय न्हंयचें उदक वळोवप बंद करपा खातीर सरकारान बेगोबेग उपाय करचे अशी मागणी म्हादय बचाव अभियानाच्या शिश्टमंडळान सोमारा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकार हांची पर्वरे मंत्रालयात भेट घेंवन केल्या. ह्या शिश्टमंडळात अभियानाची निमंत्रक निर्मला सावंत, तशेचं पर्यावरण मोगी राज्रेंद्र केरकार, तशेच हेर वांगड्यांचो आसपाव आशिल्लो.

गोंय सरकाराक केंद्रीय पर्यावरण मंत्र्या कडेन बसका करून परिस्थितीची गंभीरताय कळोवची अशीय मागणी ह्यावेळार अभियानान केल्या. सर्वोच्च न्यायालयांत ह्या प्रकरणाची बेगीन सुनावणी जावची आनी जेन्ना जेन्ना ही केस सर्वोच्च न्यायालयांत येतली तेन्ना तेन्ना दिल्लींतल्या वकीलांची नेमणूक करपा खातीर पावलां उबारपाक दबाव हाडचो.तशेंच पुलिशेच्य हजेरीत ह्या वाठाराचे हवाई सर्वेक्षण करून चालू आशिल्ल्या कामाचें आनी न्हंयच्या प्रवाहाचेर ताचो परिणाम स्पश्ट करपाची मागणी ह्यावेळार शिश्टमंडळान केल्या. म्हादय बचाओ अभियानान मुखार दवरिल्ल्या सुचोवण्यांचेर गोंय सरकार विचार करता आनी म्हादय न्हंयची राखण करपा विशीं गंभीर आसा अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. तशेंच हे विंशी ॲडव्होकेट जनरल आनी हेर वकिलां कडेन चर्चा करतले अशें तांणी सांगलें. सीएम कडेन जाल्ले बसकेंत एमबीए वांगड्यांनी कथित डायव्हर्शन स्थळांक भेट दिवपा खातीर संरक्षण मागलां. म्हादय उदका वाद न्यायालयाची पूर्व परवानगी घेतल्यारच अशी भेट शक्य जातली अशें सावंत हांणी स्पश्ट केलें. आमी आमचीं शिमां हुंपचे नात अशें तांणी स्पश्ट केलें.

खासा रिपोर्ट –

आता आमी भारत सरकाराच्या पर्यावरण आणि प्रोजेक्ट चिता अभियानाचो आकाशवाणीन तयार केल्लो खासा रिपोर्ट आयकूया...... byte ENVIRONMENT FINAL

<u>सुभाष 100</u>

ओन्दूची 'स्वच्छता ही सेवा' मोहीम १७ सप्टेंबर सुरू जावन 2 ऑक्टोबर 2025 ह्या दिसा, स्वच्छ भारत दिवस कार्यावळीन सोपतली. ह्या मोहीमेत उच्च माध्यमिक आनी महाविद्यालयांच्या राष्ट्रीय सेवा येवजण विभागाच्या विद्यार्थ्यांनी वांटेकार जावंचे अशे आवाहन महाराष्ट्र आनी गोंय विभागाचे एन.एस.एस. संचालक अजय शिंदे हांणी केलां. "स्वच्छोत्सव" ह्या संकल्पनेखाला ही पुराय मोहीम चलतली. ह्या मोहीमेखाला कार्यावळी आंखपाखातीर कांय मार्गदर्शक कार्यावळी निश्चित केल्यात.

नितळसाण नाशिल्ल्यो भौशीक सुवातो सोडून काडप आनी ताचे नकाशे तयार करप, भौशीक सुवाती निवळ करप, सफाई मित्र सुरक्षा शिवीर आयोजीत करप, पर्यावरण-अनुकूल आनी शून्य कोयराच्या उत्सवाक चालना दिवप. स्वच्छ सुजल गांव, वेस्ट टू आर्ट, कामाखातीर पुरस्कार दिवप अशा साबार उपक्रमाचो आस्पाव आसा अशे राष्ट्रीय सेवा येवजण संचालनालयान कळीत केला.

<u>प्रसाद 130</u>

योगासनाचो शरीर आनी मनाचेर खूब बरो परिणाम जाता. योग केल्यार मनशाक निरोगी जिवीत, मनाची शांती आनी दीर्घकाळ चलपी रोग बरे करपाची तांक मेळटा. आयचे तरणाटे पिळगेन योगाचार करचो. प्राणायाम, अनुलोमविलोमा आनी हेर आसनांचो नेमान अभ्यास केल्यार भलायकेचे वेगवेगळे प्रस्न बरे जावंक शकतात. आनी विद्यार्थ्यांचो अभ्यासाचेरूय बरोच लक्ष केंद्रीत जाता अशें ऊलोवप योग प्रशिक्षक श्रीया सिंगल हानी केलें. लायन्स पूर्व प्राथमिक आणि प्राथमिक शाळेंत योग वर्ग निमतान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत मुखेल वक्ता म्हणून ती उलयताली. ह्या वेळार शाळेची मुख्याध्यापिका सरिता कुंभार, लायन्स क्लब ऑफ फोंडाचे अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकर हाजीर आशिल्ले. सगल्या उपस्थिताक आणि शिक्षकांक योग प्रशिक्षणाचें आयोजन केलें. योग प्रशिक्षक श्रिया सिंगल हांच्या मार्गदर्शना खाला हें प्रशिक्षण घेतलें. ह्या प्रशिक्षणांत प्राणायाम आनी कांय मुळाव्यो आसनांचो आस्पाव आशिल्लो. ह्या निमतान योग प्रशिक्षणार्थ्यांनी प्रत्यक्ष वृक्षासन, त्रिकोणासन, भद्रासन, चक्रासन, विरभद्रासन, पद्मासन, वज्रासन, योग मुद्रासन आदीचें सादरीकरण केलें.

<u>गणेश 80</u>

गोवा क्रिकेट संघटणेचे अध्यक्ष आनी हेर पदां खातीर फाल्मंया मंगळार, १६ तारखेर वेंचणूक जातली. अध्यक्षपदा खातीर महेश कादोळकार आनी महेश देसाय हे दोनूच उमेदवार आखाड्यांत देंवल्यात. अध्यक्षा सयत सचीव, खजीनदार, सहसचीव आनी वांगडी पदा खातीर वेंचणूक जातली.

वेंचून आयल्यार २०२७ मेरेन मावळींग्यां क्रिकेट स्टेडियम उबारतले अशें आस्वासन परिवर्तन पॅनलान दिलां. सगले परवाने मेळ्ळयार स्टेडियम खंयचेय सुवातेर उबारप सहज शक्य आसा, अशी जाप चेतन देसाय हांच्या पॅनलान दिली. दोनूय पॅनलांच्या उमेदवारांनी मतदान करपी सगल्या क्लब्सांच्या वांगड्यांची भेट घेतली. वेंचणुकेंत १०७ क्लबांचे वांगडी मतदान करतले.

<u>रश्मी 50</u>

मोर्मुगांव बंदर प्राधिकरणाचे वरिश्ठ उप येरादारी वेवस्थापक जेरोम क्लेमेंट हांणी ह्या हंगामांत 31 देशी आनी 12 आंतरराष्ट्रीय क्रूझ लायनरांनी गोंयांत येवपाचे आसात अशी म्हायती दिल्या. ह्या क्रूझ लायनरांनी आपली हाजीरी पुष्टी केल्यार अंदू बंदरांत आंतरराष्ट्रीय क्रूझ लायनरांत 34 टक्क्यांनी वाड जातली अशें तांणी सांगलें. 10 सप्टेंबराक कॉर्डेलिया एम्प्रेस ह्या डोमेस्टीक क्रुझ 1050 प्रवाशांक घेवंन गोंयात आयल्या

<u>स्पोर्ट्स 100</u>

भावनगरांत चालू आशिल्ल्या ३० व्या राजमाता जिजाबाई करंडा खातीरच्या राष्ट्रीय सिनीयर महीला फुटबोल सर्तित गोंयच्या बायला पंगडान शेगीत तिसरें जैत मेळयत मुखेल फेरयेंतली आपली सुवात पक्की केल्या.काल जाल्ल्या खेळांत गोंयच्या महिला पंगडान गुजरात पंगडाचेर एकोड्या गोलान जैत मेळयलें.हो गोल मुखावयल्या फळयेंतलें अणभवी खेळगडी करिश्मा शिरवयकार हाणी खेळाच्या ६६ व्या मिण्टाक मारलो.ह्या जैतावरवीं ह गटांत गोंयचे णव गुण जाल्यात आनी गटांत पयले सुवातेर आसात.हे आदीं हें सर्तींत जाल्ल्या खेळांत गोंय महिला पंगडान म्हाराष्ट्राचेर ४आड १ गोलान जाल्यार मध्य प्रदेशाचेर ६ आड ० अशा गोल फरकांनी जैत मेळयलां.आतांमेरेन गोंय पंगडान प्रतिस्पर्धि पंगडांचेर इकरा गोल केल्यात जाल्यार फकत एक गोल घेतला.

<u>वेदर 30</u>

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २६.८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता